2891C

गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस ब्लॉक ,'सी',लो मजलो1, दादा वैद्य रोड– गोंय ,पणजी , 403001.

संकेतथळ:http://gpsc.goa.gov.in

## जायरात क्रमांक 11, वर्स 2019

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 06.12.2019 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

### I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1.प्रसुतीशास्त्र आनी अस्तुरी रोगशास्त्रांत व्याख्यातो (Lecturer in Obstetrics and Gynaecology)** .....1 पद

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग ॥ (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग ॥ प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 1 3(3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवेची पात्रताय

ळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत वरिश्ठ निवासी दोतोर/ निबंधक/ अनुशिक्षक (Tutor)/ निदर्शक (Demonstrator) म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

**II. गोंय वास्तूशिल्पशास्त्र महाविद्यालय**

**2. प्राचार्य (principal) .......1 पद**

**वेतन श्रेणी** :सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 14+ विशेश भत्तो रू. 3000/- दर म्हयन्याक **पिराय**- 50 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** i) वास्तूशास्त्र विशयांत बॅचलर्स आनी मास्टर्साची प्रथम श्रेणीची वा तत्सम बॅचलर्स वा मास्टर पदवी. Ii)योग्य त्या क्षेत्रांत पीएच.डी. वा तत्सम. iii)शिकोवप/संशोधनांत/वेवसायीक 10 वर्सांचो अणभव जातूंतलीं कमीत कमी 3 वर्सां प्राध्यापकाच्या स्तरार आसूंक जाय. वा (iv) उण्यांत उणो 13 वर्सांचो शिकोवपांत आनी/वा संशोधन आनी/वा वेवसायीक क्षेत्रांत अणभव आसूंक जाय.

**टीप:**(1) संशोधन अणभवाच बाबतींत, निवड समितीक योग्य शिक्षणीक रॅकॉर्ड आनी पुस्तकां/संशोधन पेपर प्रकाशनां/बौध्दीक मालमत्ता हक्क/पेटंट रॅकॉर्डाची गरज आसतली. जरी वेवसायीक अणभवाचो विचार केलो जाल्यार तो वेवस्थापीक स्तराचेर प्राध्यापकाच्या पांवड्यार आसूंक जाय, जंय निर्माण/रचना, विकास, नियोजन, अंमलबजावणी, विश्लेशण, गुणवत्ता नियंत्रण, नवनिर्माण, प्रशिक्षण तंत्रीक पुस्तकां/ संशोधन पेपर प्रकाशनां/बौध्दीक आनी हेर क्षेत्रांत सक्रीय वांटेकार आशिल्ल्याक, निवड समिती योग्य थारायतली. वेवस्थापन आनी नेतृत्व करपाची आवड आसप भोव गरजेची आसा.

**टीप:** (2) वास्तूशास्त्र संबंदीत, वास्तूशास्त्र मंडळान प्रमाणीत केल्लो 10 वर्सांचो वेवसायीक अणभव वैध धरतले.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**आवश्यक:** i)पीएच.डी उपरांत प्रकाशनां आनी पीएच.डी च्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केल्लें आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.